## मुख्यमंत्र्यांन स्वयंपूर्ण मित्र, पर्यवेक्षकांवांगडा बसका घेतली

ता. 8 एप्रिल 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजे मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरात तालुका नोडल अधिकारी, स्वयंपूर्णमित्र, पर्यवेक्षकांची बसका घेतली. बसकेक मुख्य सचीव श्री. परिमल राय, प्रधान वित्त सचीव श्री. पीयूष गोयल उपस्थित आशिल्ले.

मुख्यमंत्र्यान बसकेक हजर आशिल्ल्या अधिकाऱ्यांक मार्गदर्शन करतना सरकारान गोंयांक स्वयंपूर्ण करपाखातीर 2 ऑक्टोबर 2020 सावन सूरू केल्ल्या मोहिमेचे उद्दीश्ट पुर्ण करपाखातीर सरकारी यंत्रणां कामाक लागिल्ल्याचे सांगून संबंदीत अधिकाऱ्यांनी तांकां दिल्ले काम वेळार आनी वेवस्थीत तरेन पुर्ण करपाक सांगले. गोंयांक स्वयंपुर्ण करप म्हणजेच राज्यांतल्या गरजू लोकांक मदत करप, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

कोवीड महामारीच्या काळांत गोंय राज्यांक अत्यावश्याक वस्तूंखातीर शेजारच्या राज्यांचेर अवलंबून रावचे पडले, हे आमी लक्षात घेवन योग्य दिकेन पावलां मारून अशा परिस्थितीचेर मात करपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले. तशेंच तांणी अधिक्यांक गावांनी आवश्यक साधनसुविधा निर्माण करपाखातीर थळावे नागरीक आनी प्रतिनिधीकडल्यान म्हायती एकटाय करपाक सांगले.

मुख्यमंत्र्यान म्हणले, आम्ही गोंय मुक्तीचें 60 वे वर्स मनयता आसले तरी राज्यांत अशें लोक आसात जांकां मूलभूत सुविधा आजून मेरेन मेळील्ल्यो नात. अशा मळार आमका काम करचे पडटले. सरकारान १० मूलभूत सोयीसुविधांची वळेरी तयार केल्ली आसा आनी त्या प्रमाण लोकांक उदक, लायट, आसरो, टॉयलेट, किसान क्रेडिट कार्ड, माती परीक्षण कार्ड, गृह आधार , डीएसएसवाय, विमो अशां येवजणांचो लाव मेळोवन दिवपाक जाय. राज्याच्या हिताच्या दृष्टीन स्वयंपुर्ण गोंयचे उद्दीश्ट पूर्ण

करपाखातीर अधिकाऱ्यांनी आपल्यो सुचोवण्यो सरकाराक सादर करपाचोय उलो तांणी मारलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/391

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji